॥ अथ श्रीसाईसच्चरीत ॥ अध्याय ३७ ॥

॥ श्रीगणेशाय नमः ॥ श्रीसरस्वत्यै नमः ॥ श्रीगुरूभ्यो नमः ॥ श्रीकुलदेवतायै नमः ॥ श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथाय नमः ॥ धन्य धन्य साईचें चरीत । धन्य तांचें नित्य [1]आचरीत । क्रियाय अकळ भोव अद्‌भूत । अशक्य कथन सविस्तर ॥१॥ अगाध तांचें सच्चरीत । धन्य तांचें जिणेचें वृत्त । धन्य धन्य ते [2]अप्रतिहत । [3]असिधारा एकवत तांचें ॥२॥ केन्ना ब्रह्मानंदांत उन्मत्त । केन्ना ते निजबोधांत तृप्त । केन्ना सगलें करुनूय अलिप्त । अशी स्थिती ती अनिश्चीत ॥३॥ केन्ना सर्वप्रवृत्तीशुन्य । पूण तो ना निद्रासंपन्न । निजस्वार्थीं दवरून मन । जागरूक सदांच निजरुपांत ॥४॥ केन्ना दर्याभशेन प्रसन्न । मात तो अपार अमर्याद गहन । कोणाक हें अगाधरूप निरुपण । जमत सांगपाक योग्यपणान ॥५॥ दादल्यां कडेन धरीत भावपण । अस्तुऱ्यां मातां–भयर्णी भशेन । ब्रह्मचारी श्रेश्ठ विर्यवान । जाणटात सगले सर्वदा ॥६॥ हांचे सारक्यांचे सत्संगतीं । मेळ्ळी जी मती । तीच उरची निश्चल स्थिती । मरणा मेरेन अखंड ॥७॥ उदंड जावपी सेवावृत्ती । चरणांचेर लागची अनन्य भक्ती । भगवद्‌भाव सर्वांभुतीं । अखंड प्रिती तुमच्या नांवांत ॥८॥ पळोवन ताच्यो कृती एकेक । वतात जे कारणां सोदपाक । ते अजापीत जावन शेवटाक । शांत बसतात जाग्यारूच ॥९॥ बरेच जाण झगडटात सर्गसुखाक । आवडीन सर्गाची गायतात व्हडवीक । ते तुच्छ मानतात भूंय–लोकाक । मरणाची भिरांत म्हणटात हांगा ॥१०॥ मात अदृश्यांतल्यान आकाराक येतात । तिकाच

१. वागप. २. निराश जायनात अशे. ३. सोंशीकसाणीचो अंत पळोवपी भोव कठीण अशें एकवत.

'व्यक्त' स्थिती मानतात । फुडें तीच जेन्ना प्रवेशता अव्यक्तांत । 'मरण' म्हणटात तिकाच ॥११॥ अधर्म अज्ञान राग द्वेश । अशे तरेचे हे मरणपाश । हांचें उल्लंघन करता जो [१]अशेष । ताकाच प्रवेश सर्गलोकांत ॥१२॥ सर्ग सर्ग तो कितें आनीक । वैराज तोच सर्गलोक । विराट आत्मस्वरूप देख । मनाचें दुख्ख टाळिल्लो ॥१३॥ जंय ना रोगांचें निमीत । ना हुसको पिडा दुख्ख । जंय ना कोण भूक तान व्याप्त । ना दुख्खी भंयान म्हातारपणाच्या ॥१४॥ जंय ना मरणभंय । ना [२]विधिनिशेध [३]द्वय । जीव वावुरता सामको निर्भय । तीच ती दिव्य सर्गस्थिती ॥१५॥ जें आब्रह्मस्थावरान्त । पूर्ण स्थावर-जंगमांत । तेंच तत्व परत्रीं वा [४]येथ । नानात्व विरयत तेंच तें ॥१६॥ आसतकूच संवसारर्धम वर्जीत । जातकूच उपाधी युक्त । तेंच भासता [५]अब्रह्मवत । अज्ञानमोहीत जिवाक ॥१७॥ परब्रह्म तें म्हजे परस भिन्न । तें हांव न्हय, हांव तर [६]आन । अशें जाचें भेदज्ञान । तो मरणाधीन सदांच ॥१८॥ जल्मा फाटल्यान लागलें मरण । तसोच जल्म मरणा फाटल्यान । हें जल्म-मरण चक्र परिवर्तन । कायम ताच्या फाटल्यान ॥१९॥ करपाक कठीण यज्ञतपोदान । ह्या लोकांत जाचें जाता संपादन । तें नारायणपद स्मृतिविहीन । सर्गायतन कित्या खातीर ॥२०॥ फकत विशयभोगाचें स्थान । नाका आमकां तें सर्गभुवन । जंय ना गोविंद नामस्मरण । कितें ताचो उपेग ॥२१॥ वच सर्गांत वा नरकांत । फरक ना विशयसुखांत । इंद्राक वा गाढवाक पळयात । सूख जाणात एकूच ॥२२॥ इंद्र नंदनवनांत घोळटा । तोच गाढव [७]व्हाऱ्यार लोळटा । सूख दोगांकूय एकूच मेळटा । फरक ना तातूंत कुसकुटाचो ॥२३॥ जंयच्यान पुण्यनाश पतन । कित्याक ताचे खातीर यत्न । ताचे परस बरें हांगाचें [८]जनन । म्हत्वान गहन भुंयलोक ॥२४॥ जंय जीण कल्पवर । कितलो तो ब्रह्मलोक थोर । अल्पायुश्य जावचो कित्याक

१. जाची बाकी उरना असो. २. कर्तव्याकर्तव्य विचार. ३. झगडें. ४. हांगा. ५. भशेन. ६. वेगळो. ७. कोयराराशीर. ८. जल्म, उत्पत्ती.

खीणभर । भुंयलोका भशेन आनीक ॥२५॥ [१]क्षणभंगूर आयुश्यपण । केल्लें कार्य एक खीण । करता जो सगलें ईश्वरार्पण । अभय स्थान तो मेळयता ॥२६॥ जंय ना भगवद्भक्त जन । करिनात जे हरिगुरूकथा वर्णन । संगीत नाच भगवत्पुजन । तें स्थान कसल्या उपेगाचें ॥२७॥ ब्रह्मात्म ऐकत्व–विज्ञान । आत्यंतीक निःश्रेयस साधन । तें तर ह्या सर्गा परस गहन । भुंयलोक हें ताचें स्थान ॥२८॥ काया वाचा मन एक करून । करात पंचप्राण समर्पण । निश्चेवान बुद्दीय लीन । जावची गुरू अधीन संपूर्ण ॥२९॥ अशे सद्गुरूक वतकूच शरण । भवभंयाक उरना कारण । कित्याक रावचें प्रपंचाच्या हुसक्यान । आसतना निवारपी सर्वस्वीं ॥३०॥ जंय आसता अज्ञान । थंय पुत्र–पशू असलें बंधन । सरता दीसरात संवसाराच्या हुसक्यान । वेळ ना मात्तूय सुविचाराक ॥३१॥ अज्ञानपण सगल्यांचें मूळ कारण । उपरासता नानात्व [२]विंदान । म्हणुनूच आचार्या कडल्यान । शिकचें संस्कृतज्ञान ॥३२॥ वतकूच समूळ अज्ञानपण । उरना कुसकुटभर नानात्वज्ञान । चुकता ताचें जल्ममरण । एकत्व विज्ञान हाका मूळ ॥३३॥ धरता जो कुसकुटभर भेददृश्टी । पडटलो जल्ममरणाचे [३]कश्टीं । ताच्या विनाश आनी सृश्टी । लागली फाटीक कायम ॥३४॥ 'श्रेय' होच जिचो विशय । तीच ती विद्या [४]निसंशय । जिचो विशय फकत [५]'प्रेय' । नांव तिका अज्ञान ॥३५॥ मरण हेंच व्हडलें भवभंय । तातूंतल्यान जावपाक निर्भय । धरात गुरूचे पांय दोनूय । अद्वयबुद्दी दितले ते ॥३६॥ जंय दुसरो–[६]अभिनिवेश । थंयच ह्या भंयाक प्रवेश । म्हणून जंय ना भंयाचो [७]लवलेश । तें निर्विशेश पद आपणायात ॥३७॥ शुद्ध भावनेचें चंदन । लायात गुरूच्या कपलाक व्हरून । न्हेसयात पितांबर भावार्थान । दाखयतलो तो तुमकां

१. खिणांत नाश जावपी. २. चातुर्य. ३. त्रासांत. ४. दुबावा विरयत. ५. इंद्रियांक प्रीय अशें ऐहीक सूख.
६. अहंकार, अभिमान. ७. कुसकुटभर.

विश्वंभर ॥३८॥ दृढ श्रद्धेचें शींवासन । अश्टभावान पूर्ण सजोवन । घालात खोसयेच्या दुकांचें न्हाण । जातलो प्रसन्न तत्काळ ॥३९॥ भक्ती माळेचो कमरपटो बांदून । जायात पूर्ण ताचे सुवादीन । सर्वस्व प्रेमान उडयात उंवाळून । मागीर आरती दाखयात ॥४०॥ कसल्याय कार्याचो प्रविलय । जाता धरून अस्तित्व आश्रय । फातरान बुडकुलो फोडलो तरीय । नश्ट जाता फकत आकारूच ॥४१॥ बुडकुल्याच्या अस्तित्वाक तेन्ना । कुसकुटाचीय बादा येना । फुटिल्ल्या करपां मदींय तेन्ना । उरता वंशपरंपरा बुडकुल्याची ॥४२॥ म्हणून कार्याचें जें प्रविलापन । तें अस्तित्वनिश्ट चिरंतन । म्हणून कोणाचेंय मरण । न्हय शेवट शुन्यत्वांत ॥४३॥ कार्य ना कारणा [१]व्यतिरिक्त । जालें व्यक्त जरी अव्यक्त । तरी तें सदांच सदन्वीत । हें तर खबर सगल्यांक ॥४४॥ सुक्षीमतायेचें हेंच उणावपण । ताची परंपराय दिता दाखोवन । स्थुलकार्य विलयांत खरेपणान । बाकी सुक्षीमकारणूच ॥४५॥ ताचोय विलय जातकूच । ताचे परस सुक्षीम बाकी उरतकूच । सगलीं इंद्रियां मन बुद्दी ज्ञातोच । पावता वैफल्याक स्विकारपी ॥४६॥ तात्पर्य बुद्दी ही जंय थांबता । हांगाच मुर्ती अमुर्ती जाता । मात ताचो ना सद्भाव धांपता । ब्रह्म परजळटा सगल्याक ॥४७॥ बुद्दी कामाक दिता आश्रय । म्हणून तिचो जातकूच विलय । तत्काळ जाता आत्म्याचो उदय । पडटा अक्षयपद नदरेक ॥४८॥ अज्ञान माया काम कर्म । हेच मुख्य मरणाचे धर्म । जातकूच त्या सगल्यांचो [२]उपरम । जाता [३]उपशम बंधनांचो ॥४९॥ जातकूच सगलो बंधननाश । प्रगट्टा आत्मो [४]अप्रयास । जशें कूप वचपाचो अवकाश । सूर्य स्वतेजान परजळटा ॥५०॥ शरीर हांव, हें म्हजें धन । हाचें नांव दृढ 'देहाभिमान' । हेंच हृदयग्रंथी निबंधन । दुख्ख अधिवेशन मायेचें ॥५१॥ जरी हो देह एकदां शांत जालो । कर्मबिजान देहांतर पावलो । ती बी

१. बगर. २. अखेर. ३. नाश. ४. यत्नां बगर.

पुरायेन लासपाक चुकलो । म्हणटकूच आयलो पुनर्जल्म ॥५२॥ परत बियेचे वृक्ष जातात । वासनेचे बियेन देह मेळयतात । अशें हें चक्र उरता चलत । अंता मेरेन कायम वासनेच्या ॥५३॥ कामांचो जेन्ना समूळ नाश । तसो हृदयग्रंथी [१]निरास । तेन्नाच अमर, मेल्लो मनीस । होच उपदेश वेदांतांत ॥५४॥ धर्म–अर्धम योग्य अवस्था । जिका नांवान म्हणटात 'विरजा' । अज्ञानाचें जी निर्मुलन करता । उरना सुक्षीम गती मरणाक ॥५५॥ वासनांचो पुरायेन त्याग । तोच ब्रह्मानंदाचो योग । 'निरालेख्या' ताका उतर प्रयोग । वाचाविनियोग 'अनिर्वाच्य' ॥५६॥ जातकूच परब्रह्मज्ञान । तेंच सकल अनिश्टांचें निरसन । तेंच करता मनांतल्यो इत्सा पूर्ण । हीच श्रुतिस्मृतिची प्रमाणटाय ॥५७॥ 'ब्रह्माविदाप्नोति परं' । हेंच ब्रह्मानंदसाध्य [२]चरम । हाचे परस हेर कितें परम । ''तरति शोकमात्मवित्'' ॥५८॥ संवसार दर्या काळखी मूळ । मारपाक ताची पलतड । ब्रह्मज्ञानूच उपाय [३]निखळ । साधन सकळ प्राप्तीचें ॥५९॥ पूर्ण श्रद्धा आनी धीर । हेच साक्षात उमा महेश्वर । मस्तकीं नासतना तांचो कृपाकर । दिसना विश्वंभर काळजांत ॥६०॥ उलयले साईनाथ गुरूवर्य । उतरां जांचीं अमोघवीर्य । जाय निश्ठेचें अल्प धैर्य । उपाट ऐश्वर्य मेळयतले ॥६१॥ असन्मात्र सगलें दृश्य । हें तर मानतात अवश्य । सपन दर्शन घेयात प्रत्यक्ष । दिता ज्ञान सकल अदृश्याचें ॥६२॥ हांगा मेरेन बुद्दिची धांव । तसोच आत्म्या कडेन सद्भाव । मात जंय ना [४]सदसता ठाव । तो तत्वभाव तो आत्मो ॥६३॥ सदसदा असले प्रत्यय वर्जीत । अलिंग सर्वविशेशा विरयत । तेंच उतर उतरांतलें अंतर सांगीत । तेंच सर्वगत गुरूरूप ॥६४॥ आत्मो सकल बाकी शुन्य । म्हातारपण, जल्म–मरण विहीन । हो शाश्वत आनी पुराण । नाशा विरयत सदांच ॥६५॥ हो नित्य ईश्वर पुरातन । सर्वगत जशें गगन । अनादी आनी अविच्छिन्न ।

१. निरसन, परिहार. २. निमाणें. ३. शुद्ध. ४. बरें-वायट.

वृद्धिशुन्य अविक्रीय ॥६६॥ जें अबोल आनी अरूप । अनादी अनंत आनी अमूप । अव्यय अगंध अरस अलेप । कोणाच्यान स्वरूप वर्णूं येत ॥६७॥ मात दिसना अशा निर्गुणाक । अज्ञानपणान जरी अज्ञानाक । ज्ञानान घालयात ह्या अज्ञानपणाक । म्हणूं नाकात केन्नाच शुन्य ताका ॥६८॥ कितली ही परमहंसस्थिती । श्रीसाईंची निजसंपत्ती । काळान चोरली हातोहातीं । दिसतली ती परतून कशी ॥६९॥ धन पूत मागपी भक्त । हांचें कितें घेवन बसल्यात । दर्शनाक येताले योगी विरक्त । रावताले तल्लीन चरणां कडेन ॥७०॥ काम कर्म बंधन [1]विमुक्त । सर्वैषणा-विनिर्मुक्त । देह घर हांचे विशीं विरक्त । धन्य भक्त तो जगांत ॥७१॥ साई जाचो दिश्टीहेत । ताका वस्त्वंतर कशें दिसत । दृश्यमात्रांत साईच फकत । दिसना आनीक सुवात रिती ॥७२॥ मुखांत श्रीसाईंचें नाम । काळजांत श्रीसाईचें प्रेम । ताका नित्य सुसेग [2]क्षेम । राखता स्वता साईच ताका ॥७३॥ आयकुपाचीय तीच गत । उतर ना साई विरयत । नाकांत साईपरमळ भरीत । जीब पाझरता साईरसान ॥७४॥ सुखाचें जें अस्सल सूख । कितलें साईंचें हांसतें मूख । धन्य भाग्यवंत तो एक । उतरांचें अमृत हें जो पियेलो ॥७५॥ कल्याणाचें उपाट धन । सूखशांतीचें जल्मस्थान । सदसद्विवेक वैराग्यवान । सदा जागरूक काळजांत ॥७६॥ तृप्त जालें जरी दूद पियेवन । तरीय हालना भुरगें आवय कडल्यान । तशेंच आसचें दृढ मनान । दावणेक बांदून गुरूचरणांचे ॥७७॥ जावपाक पात्र गुरुकृपा प्रेमाक । वंदात तांच्या चरणांक । स्मरात केल्ल्या हितबोधाक । घेयात अणभव पावला पावलाक ॥७८॥ यथेच्छ रमतना इंद्रियार्थीं । काळजांत दवरात साईप्रिती । तोच उपकाराक येतलो [3]अंतीं । सुवार्थांत, परमार्थांत दोनांय कडेन ॥७९॥ मंत्रसिद्द मांत्रीक उलगडून । दाखयता पायाळूक भुमिगत धन । तशीच गुरूचरणांचे धूळ सुगंध दोळ्यान । ज्ञानविज्ञान

१. मेकळो. २. कल्याण. ३. अखेरेक.

पावता ॥८०॥ सिद्धांचें जें जें लक्षण । साधकांचें तें तेंच साधन । साध्य करपाक खर यत्नान । करचो अभ्यास सुज्ञान ॥८१॥ दुदाच्या पोटांत आसता तूप । पूण केले बगर तें आंबट । ना ताक ना [1]नवनीत । ताकाय गरज संस्कारांची ॥८२॥ ताक घुसळ्ळे बगर । जायना केन्नाच लोणी तयार । तें आटयले बगर । मेळना तूप रुचीक ॥८३॥ जाय संस्कार बलवत्तता । खर अभ्यासान बुद्धिमत्ता । अभ्यासा वीण जायना चित्तशुद्धता । तिचे बगर दुर्गमता ज्ञानाक ॥८४॥ जावची निर्मळ चित्तवृत्ती । जाल्यारूच जातली आत्मप्राप्ती । हाताक मेळना मेरेन ती स्वरूपस्थिती । भगवद्भक्ती सोडची न्हय ॥८५॥ आत्मज्ञानाचें देवूळ बांदपाक । लागता भगवद्भक्तीची बुन्याद । चारूय मुक्तींचे कळस परजळपाक । उबोवपाक बावटो विरक्तीचो ॥८६॥ दीसरात लोळटात चिखलांत । सुणीं दुकर हळशीक खातात । विशयभोग तींय भोगतात । तेंच कित्याक व्हडपण नरदेहाचें ॥८७॥ जाता जातूंत चित्तशुद्धी । जातूंत अखंड ब्रह्मासिद्धी । तें स्वधर्म आचरण आदीं । मेळय हें तप नरदेहांत ॥८८॥ साधुसेवा मुक्तीचें घर । स्त्रीलंपटाक नरकाचें दार । हे पुज्य ज्येश्ठांचे उद्गार । विचार करपा सारके सदांच ॥८९॥ सदांच सदाचार संपन्न । शरीर जगपा पुरतें अन्न । घर दार आदी इत्साशुन्य । असो जो धन्य तो साधू ॥९०॥ जांच्या अखंड ध्यानांत साई । पळयात नवलाय प्रचितीची । स्वता साई तांकां ध्याई । जावन उपकारी तांचो ॥९१॥ धन्य नामस्मरणाचें म्हानपण । गुरूय करतात भक्तस्मरण । ध्यान करपी ध्येयस्थितीक पावून । पूर्ण विसर एकामेकांक ॥९२॥ ''तुमकां खबर तुमची करणी । म्हाका दीसरात तुमची [2]घोंकणी'' । अशी बाबांची प्रेमळ वाणी । आसतली उगडासांत अनेकांच्या ॥९३॥ लागना आमकां ज्ञानकथा । पुरो ही एक साईंची गाथा । कितलींय पापां आसूं दी [3]माथा । संकश्टांत सांबाळपी होच

१. लोणी. २. ध्यास. ३. माथ्यार.

आमकां ॥९४॥ करपाक जमनात जरी पारायणां । तरी हातूंतलीं गुरूभक्ती–प्रकरणां । श्रोत्यांनो करात हृदया भरणां । सदांच आयकून नेमान ॥९५॥ खंयच्याय वेळार तुमचे सवडींत । वाचलें नेमान जरी हें चरीत । खात्रेन निजगुरूराजा सयत । मेळटलो श्रीहरी भाविकांक ॥९६॥ अखंड लक्ष्मीन भरतलें घर । वाचतले जे निरंतर । उणेंच एक सप्तकभर । दळडीर पयस जातलें ताचें ॥९७॥ हें हांव सांगतां अशें म्हणूं नाकात । तातूंत मन जातलें दुबावीत । साईच घालता तें म्हज्या तोंडांत । दियात क्लिश्ट विचार सोडून ॥९८॥ तो हो सकळगुणांची खण । साई दिता भक्तांक मुक्ती दान । कथा जाच्यो करतात [१]कलिमलदहन । श्रोत्यांनो कान दिवन आयकात ॥९९॥ अशे तरेच्या संतकथां मुखार । सर्गसूख तें कसलें चिल्लर । कोण वळून पळयतलो थंयसर । सोडून सत्कथन हें म्होवाळ ॥१००॥ सूख दुख्ख हे मनाचे विकार । सत्संग सदांच निर्विकार । करता चित्त चैतन्य आकार । दिना थारो सूखदुख्खांक ॥१०१॥ जें सूख विरक्तींत एकांतान । वा जें भक्तान करतकूच भक्तीन । आसूं इंद्राक वा चक्रवर्तीक । मेळना तांकांय कल्पनेंत पसून ॥१०२॥ नशीब भोग बलवत्तर । बुद्दी जल्मता कर्मा प्रमाण । येवं दी मात हे नेमनेमांतर । भक्त तत्पर टाळटले ॥१०३॥ करात तुमी [२]भगीरथ उद्देग । चुकचे नात प्रारब्ध कर्मभोग । अवश्यभावित्वाचो योग । ताचो वियोग अशक्य ॥१०४॥ जशें येता दुख्ख [३]अवांछीत । सुखूय तशेंच अकल्पीत । देहाची, नशिबाची ही गत । संत जाणटात आदींच ॥१०५॥ अखंड तांचें नाम आवर्तन । हेंच आमकां एकवत तप दान । वेळावेळार शिरडी प्रयाण । हेंच तिर्थाटन आमचें ॥१०६॥ ''साई साई'' अशें नामस्मरण । ह्याच मंत्राचें अनुश्ठान । हेंच ध्यान हेंच [४]पुरश्चरण । वच्चें अनन्य शरण हांकां ॥१०७॥ निश्कपट प्रेमान आख्यान । इतलेंच खरें तांचें पुजन । मागीर काळजांत घेयात

१. कलियुगांतल्यो दुश्ट वान्सा जाळून उडयता. २. यत्नांची पराकाश्टा. ३. इत्सा धरिनासतनाय. ४. थारावीक मंत्रजप.

अणभवून । अतर्क्य तांचें चातुर्य ॥१०८॥ पुरो आतां हें [1]गुऱ्हाळ । आमकां जाय सत्वर [2]गूळ । आदीं सुचयिल्ली कथा रसाळ । आयकुपाक सगले इत्सूक ॥१०९॥ असो श्रोत्यांचो भाव । वळखून सुचयिल्ली कथा नवलाव । आटापलो हो ग्रंथगौरव । जाणविकायचें भान राखपाक ॥११०॥ काव्यपदबंध व्युत्पत्ती । नकळों हांव पामर मंदमती । करधृत लेखणी धरून हातीं । साईच सांगता तें बरयतां ॥१११॥ साई नासतना बुद्दी दिणारो । हांव कोण चरित्र बरयणारो । ताची कथा तोच सांगणारो । आनीक बरोवपीय स्वता तोच ॥११२॥ आसूं, आतां कथा आख्यान । चावडी हांडो प्रसाद कथन । करुया म्हणून दिल्लें आस्वासन । कथानिरुपण तें आयकात ॥११३॥ आनीकूय त्याच संदर्भांतल्यो । वा दुसऱ्यो ज्यो स्मरतल्यो । त्यो त्यो सांगप जातल्यो । आयकुच्यो शांत चित्तान श्रोत्यांनो ॥११४॥ धन्य साईकथांचो नवलाव । धन्य धन्य श्रवणप्रभाव । चिंतनान प्रगट्टा निजसभाव । वाडटा सद्भाव साईचरणीं ॥११५॥ आतां पयलीं चावडी वर्णन । सुवाळ्याचें करुया दिग्दर्शन । बाबा करताले दिसा आड [3]शयन । चावडे भितर नेमान ॥११६॥ एक रात मशिदींत । दुसरे राती न्हिदताले चावडेंत । असो हो क्रम बाबांचो नित्य । चल्लो समाधे मेरेन ॥११७॥ फुडें एकुणीसशें णवाच्यान । त्या वर्साच्या धा डिसेंबराच्यान । चावडे भितर साईंचें अर्चन । लागलें भजन पुजन जावपाक ॥११८॥ तो चावडेचो सुवाळो । करुया सुरवात जमता तितलो । साईंचो आशिर्वाद मेळटलो । व्हरतलो विश्वंभर तडीक ॥११९॥ चावडेची येतकूच रात । भजनमंडळी येताली मशिदींत । भजन चलतालें माटवांत । दोन [4]प्रहरां मेरेन अखंड ॥१२०॥ फाटल्यान रथ सोबीत । उजवे वटेन तुळशीचें पेड । मुखार बाबा आसनस्थ । मदीं भक्त भजन करताले ॥१२१॥ जांकां आदर हरिभजनांत । दादले अस्तुऱ्यो असंख्यात ।

१. खंथ. २. गोड. ३. न्हीद. ४. तीन वरांचो एक प्रहर.

जमताले मशिदीच्या माटवांत । भजना खातीर आवडीन ॥१२२॥ कोण हातांत घेवन ताळ । कोण चिपळ्यो [१]करताळ । कोण पखवाज डफली [२]घोळ । करताले भजनकल्लोळ आकांताचो ॥१२३॥ साईसमर्थ लोहचुंबक जावन । आपले सत्तेच्या आकर्शणान । ओडून नास्तिकांक पसून । हाडीत अचळय चरणां कडेन ॥१२४॥ [३]हलकारे दिवट्यो पेट्टाल्यो आंगणांत । थंय कोण तरी पालखी सजयत । भालदार रावून तयार दारांत । करताले ललकार जयघोश ॥१२५॥ चौकांत मखरां तोरणां । वयर मळबांत उबतालीं निशाणां । नवीं वस्त्रां दिव्याभरणां । सजयलीं भुरग्यांक भुशणांनी ॥१२६॥ मशिदीच्या वाठारांत । पणट्यो वळीन पेटयत । घोडो श्यामकर्ण आंगणाच्या दारांत । तयार आसतालो सजोवन ॥१२७॥ तेन्ना तात्या पाटील येताले । वांगडा बऱ्याच लोकांक हाडटाले । बाबां सरेन वचून बसताले । वचपाक तयार बाबां वांगडा ॥१२८॥ बाबा जरी आसताले तयार । तात्या पाटील येता म्हणसर । बसून रावताले आपल्या जाग्यार । वाट तांची पळयत ॥१२९॥ जेन्ना खांकेंत घालून हात । तात्या पाटील बाबांक उठयत । तेन्नाच बाबा वचपाक लागत । चावडे मेरेन थंयच्यान ॥१३०॥ तात्या म्हणटाले मामा बाबांक । ह्या तांचे मदल्या प्रेमाक । अशा तांच्या आत्मधर्माक । दिवप उपमा कठीण ॥१३१॥ सदांचीच कफनी चडोवन । सटको आपलो खांकेक मारून । तंबाकू आनी चिलीम घेवन । उडयताले लुगट खांद्याचेर ॥१३२॥ अशे बाबा जातकूच तयार । तात्या घालताले तांच्या आंगार । जरीचे देगेचो शेलो सुंदर । करताले सारको मस्तकाचेर ॥१३३॥ मागीर बाबा फाटले वणटी कडेन । दवरताले जंय लांकडांचो भरो बांदून । उजव्या पांयाचो आखाणो तेंकोवन । हालयताले ताका खीणभर ॥१३४॥ रोखडीच थंयची पेटपी ज्योत । मारून तिचेर उजवो हात । स्वता साई पालयत । मागीर

१. झांजी भशेन एक वाद्य. २. चिमट्या भशेन वाद्य. ३. पेत्रोलमासा भशेन एके तरेचो दिवो.

वताले चावडे वटेन ॥१३५॥ साई लागतकूच वचपाक । वाद्यां लागतालीं वाजपाक । नळे चंद्रज्योती पेटपाक । दिवट्यांचो झगमग चारूय वटयां ॥१३६॥ कोण वाटकुळ्यो धणूच्या आकाराच्यो । फुकताले शिंगां कोर्ने तुताऱ्यो । कोण वाजयताले ताशे झांजो । गर्दी उपाट ताळ वाजोवप्यांची ॥१३७॥ पखवाज तंबोरे हांचो झणत्कार । साईनामाचो व्हड गजर । चलताले भजन करीत बरोबर । दादले अस्तुऱ्यो प्रेमान ॥१३८॥ [1]दिंडी घुडयो उबयत । कोण तरंगां अब्दागिरां मिरयत । नाचत उडत भजन करीत । वताले समस्त फाटल्यान ॥१३९॥ भोव खुशाली सगल्यांक । घेवन वताले तरंगां ध्वज । ताशे तुताऱ्यो कोर्न्यांचे आवाज । जयकार थयकार घोड्याचो ॥१४०॥ अशी वाजंतरांच्या गजरांत । मशिदींतल्यान स्वारी येत । भालदार ललकारी दीत । बाबा सोंपणांचेर पावताले तेन्ना ॥१४१॥ ताळ झांज पखवाजाच्या मेळांत । कोण तंबोरे चिपळ्यो वाजयत । भक्त भावीक भजन करीत । भक्तीभावान ते सुवातेर ॥१४२॥ घुडयो बंदेरां घेवन हातांत । भक्त चलताले खुशालभरीत । कुशीक दोग चंवऱ्यो धरीत । घालीत वारो बाबांक ॥१४३॥ शेले शाल बी घालताले । पांयघडयो मार्गांत हांतरताले । बाबांक हाताक धरून चलयताले । चंवऱ्यो घालताले तांचेर ॥१४४॥ तात्याबा धरताले दावो हात । म्हाळसापती उजवो हात । बापूसाहेब जोग तरंग धरीत । अशी स्वारी वताली चावडेर ॥१४५॥ मुखार तो घोडो [2]ताम्रवर्ण । नांव जाचें श्यामवर्ण । खुळखुळटाले पांयांत पैंजण । भुशीत जो सगल्या अलंकारांनी ॥१४६॥ भालदार चलताले मुखार । करीत साईनामाचो गजर । धरताले तरंग तरंगांकार । घालताले वारो चंवऱ्यांकार ॥१४७॥ वाजंत्री ताशे वाजयत । भक्त जयजयकारान गर्जत । असो भक्तमेळ चलत । ललकारताले प्रेमान भालदार ॥१४८॥ हरिनामाचो एकूच गजर । ताळ झांज

१. एक वाद्य. २. तांबड्या रंगाचो.

पखवाज सुस्वर । त्या तालाचेर भक्तसंभार । गर्जत ललकारत चलतालो ॥१४९॥ असो भजनांत भक्तसंभार । जावन उपाट आनंदनिर्भर । वाटेक साईंचो जयजयकार । करीत चौकेर पावताले ॥१५०॥ ताळ झांज धोल घोळ । वाद्यां वाजतालीं भोव तुंबळ । साईनामाचो मोटो बोवाळ । भजन प्रेमळ मौजेचें ॥१५१॥ वांगडा चलताले नारी नर । सगले भजन खोसयेंत निर्भर । करीत साईनामाचो गजर । आवाज पावतालो दिगंतरा ॥१५२॥ वाजंतरी गाजयताले गगन । सगले नाचताले खोसयेन । अशे आगळे मिरवणुकेन । जाताली स्वारी चावडेची ॥१५३॥ मळबांत सांजवेळचो सूर्य जसो । तापिल्ल्या भांगराचो गुळो कसो । चेरो बाबांचो दिसतालो तसो । रावताले उबे जेन्ना चावडे मुखार ॥१५४॥ तेन्नाची ती मुखशोभा । पातळळी जशी बाल [1]अरूणप्रभा । जसो चैतन्याचो [2]गाभा । कोण तो लाभ टाळटलो ॥१५५॥ धन्य तेन्नाचें दर्शन । मुखतेज आरक्तवर्ण । उत्तराभिमूख एकाग्र मन । जशे आपयताले कोणाक तरी ॥१५६॥ ताशे, वाजंत्र्यांचो गजर । म्हाराज आनंदनिर्भर । सकयल वयर उजवो हात । करताले परत परत तेन्ना ॥१५७॥ रुप्याच्या ताटांत फुलां भरपूर । घेवन [3]दीक्षित [4]भक्तप्रवर । फुलां आंगभर साईंचेर । ओंपताले त्या वेळार ॥१५८॥ गुलाल घालून गुलाब फुलांचेर । काकासाहेब मागीर निरंतर । रावताले ओंपीत साईंचेर । प्रेम भक्ती भावनेन ॥१५९॥ अश्यो जेन्ना त्यो गुलाल मिश्रीत । फुलां कळयो काका ओंपीत । ताशे झांज ताळयो वाजत । गडगड मोटो वाद्यांचो ॥१६०॥ गांवचे लोक बाबांच्या प्रेमान । येताले दर्शनाक पूर्ण भक्तीन । मुखामळां उपाट खोसयेन । आसतालीं भरिल्लीं सगल्यांचीं ॥१६१॥ आसूं, पळोवन तो तेजविलास । लोकांचे दोळे दिपावताले खास । प्रेमळांच्या मनाक जातालो उल्लास । भवसायास निवृत्ति ॥१६२॥ कितलें तें दिव्य तेज अद्‌भूत । सोबतालो जसो

१. तेज. २. गाबो, गर, मदलो भाग. ३. काकासाहेब. ४. श्रेश्ठ.

बाल [1]भास्वत । मुखार ताशे कहाळा गर्जत । उबे रावताले बरोच वेळ ॥१६३॥ करून सकयल वयर सतत । हालयताले उजवो हात । एकाच जाग्यार उत्तराभिमूख । अर्दो आदेस मेरेन ॥१६४॥ गाबो केवड्या भशेन । तेज तांबश्या चंद्रा भशेन । अशक्य ते सोबायेचें वर्णन । दोळ्यांनीच लाभ घेवपाचो ॥१६५॥ म्हाळसापती अचकीत मागीर । लागताले नाचपाक काडून अवसर । तेन्ना ती बाबांची स्थिती एकाग्र । पळयतकूच दिसतालें अजाप ॥१६६॥ उजवे वटेन उबो भगत । पालव बाबांचो धरून हातांत । फाटसून तात्या कोते चलत । घेवन हातांत कंदील ॥१६७॥ कितलो मौजेचो तो उत्सव । भक्तीप्रेमाचो तो गौरव । पळोवपाक ताचो नवलाव । जमताले गरीब गिरेस्त ॥१६८॥ आपल्या तेजान घणघणीत । मुखचंद्र सोज्ज्वळ आरक्त । अवर्णनीय सोबाय सोबत । खुशालभरीत लोक जातालो ॥१६९॥ हळूहळू चलताले वाटेन । दोनांय अर्दांनी भक्त गर्देन । उपाट भरताले भक्तीप्रेमान । येताले उमाळे खोसयेचे ॥१७०॥ आतां फुडें असो सुवाळो । मेळचोना कोणाकूच पळोवंक आगळो । दीस गेले आनी वेळूय सोंपलो । फकत चिंतुनूच समाधान मानपाचें ॥१७१॥ वाजंत्री वाजयताले अपार । मार्गांत करताले जयजयकार । चावडेंत बसोवन आसनाचेर । दाखयताले आरती पंचारती ॥१७२॥ पांखें सजयताले धव्या लुगटान । झुंबर दिसताले सोबून । हारशाचो उजवाड पांख्यांतल्यान । सुवाळो तो दोळे दिपकावपी ॥१७३॥ भक्तमंडळी सगले मेळून । चावडेंत वताले जमून । तात्याबा मागीर घालताले आसन । व्हरून बसयताले बाबांक ॥१७४॥ अशें तें तयार वरासन । फाटल्यान लोडाचें [2]ओठंगण । जातकूच बाबा स्थानापन्न । झगो तांकां घालताले ॥१७५॥ वयर दिव्य वस्त्रां घालून । पुजा करताले खुशालेन । आरती करीत महागजरान । घालताले हारतुरे तांकां ॥१७६॥ गंध चंदन तिबो लावन ।

१. सूर्य. २. तेंकपाक.

करताले साईंक करोद्वर्तन । उंची वस्त्रांनी अलंकारून । मुकूट घालून पळयताले ॥१७७॥ केन्ना सुवर्णमुकूट सोबिवंत । केन्ना जरीचो फेटो बांदीत । [१]कलगी तुरो जाचेर झळकत । गळ्यांत हिरे माणकां ॥१७८॥ माळो धव्या मोतयांच्यो । घालीत मागीर तांच्या गळ्यांत त्यो । दिव्याच्या उजवाडान चकचकतालो । भेस आगळो तांचो ॥१७९॥ कस्तुरीच्या सुगंधाची काळसर । रेग काडटाले वयर कपलार । तिबो लायताले मदीं तिचेर । वैश्णवकुळीन लायतात तसलो ॥१८०॥ जांबळो मखमली जरीचे देगेचो । झगो दोनांय खांद्यां वयलो । हळूच फाटल्यान करताले सारको । निसरल्यार सांवरताले दोनांय वटयां ॥१८१॥ तशेंच तकलेक मुकूट भुशण । वा फेटो बदलून । वयलेवयर धरताले उबारून । हळूच फाटल्यान कळनासतना ॥१८२॥ आसूं तो फेटो वा मुकूट । तेंकलो जाल्यार मारतले भिरकावन । भिरांत ही जरी मनांतल्यान । प्रेम उमळशीक अमर्याद ॥१८३॥ साई जो [२]सर्वांतर्ज्ञानी । तो कितें नकळो भक्तांची लिपोवणी । पूण तांचें कवतूक पळोवन मोन्यांनी । मुद्दमूच ओगी रावतालो ॥१८४॥ ब्रह्मअणभवान विराजमान । तांकां जरीचे देगेचो झगो भुशण । निजशांतीन सोबायमान । तांकां अलंकरण मुकुटाचें ॥१८५॥ तरीय तरातरांचे सुंदर । घालताले बाबांक अळंकार । कपलाचेर तिबो मनोहर । काडटाले केशरमिश्रीत ॥१८६॥ हिरे मोतयांच्यो माळो । गळ्यांत सजयत सगल्यो । कोण कपलार लायताले तिबो । चलताल्यो लिला भक्तांच्यो ॥१८७॥ शृंगार पूर्ण जाले उपरांत । मस्तकाचेर जेन्ना चडयताले मुकूट । मोतयांचो हार घालतकूच गळ्यांत । वर्णना भायली ती सोबाय ॥१८८॥ नानासाहेब निमोणकर । धरताले बाबांचेर छत्र [३]पांडूर । दांड्या सयत ते ती झालर । घुंवडायताले वांगडा चक्रा भशेन ॥१८९॥ बापूसाहेब अतीप्रेमान । धुयताले मागीर गुरूचरण । अर्ध्य

१. फेट्याचेर लावपाचें रत्नांचें भूशण. २. सगल्यांच्या मनांतलें जाणणारो. ३. फिकट.

पाद्य भक्तीन ओंपून । करताले पुजा यथोचीत ॥१९०॥ मुखार दवरून रुप्याचें [1]तामण । तातूंत दवरून बाबांचे चरण । धुयताले भोव आदरान । करोद्वर्तन उपरांत ॥१९१॥ घेवन केशर वाटयेंत । [2]उटणें लायताले हातान । विडो ओंपताले पोसो करून । प्रसन्न नदर श्रीसाईंची ॥१९२॥ बाबा जेन्ना गादयेर बसताले । तात्याबा बी उबेच रावताले । हाताक धरून बाबांक बसयताले । वंदीत चरण तांचे आदरान ॥१९३॥ निर्मळ चावडी भुमिका शुद्ध । घोटीव आनी स्फटीकबद्ध । घेताले भेट आबालवृद्ध । प्रेमान घट्ट श्रीचरणीं ॥१९४॥ जातकूच गादयेर विराजमान । बसताले बाबा उश्याक तेंकून । चंवरी चामर हालोवन । वारो घालीत दोनांय वटयां ॥१९५॥ माधवराव चुरो भरीत । चिलीम रोखडीच तयार करीत । तात्याबाच्या हातांत दीत । तात्या पयलो झुरको मारताले ॥१९६॥ चिलीम सारकी पेटले उपरांत । तात्याबा दिताले बाबांच्या हातांत । बाबांनी झुरको मारले उपरांत । दिताले काडून भगता कडेन ॥१९७॥ मागीर ती चिलीम सोंप मेरेन । एकेकल्या कडेन वाटकुळान । भगत शामा तात्या कडल्यान । भोंवताली वयले वयर अशीच ॥१९८॥ निर्जीव वस्त तरीय ती धन्य । कितलें तिच्या भाग्याचें व्हडपण । तुळा जावची ना आमकां सजिवांक पसून । सेवा ती खरी तिचीच ॥१९९॥ तपश्चर्या ही महाकठीण । खोंटांनी मस्तलें भुरगेंपण । फुडें सोंसून [3]शीतोष्णतपन । गेली भाजून उज्यांत ॥२००॥ भाग्यान बाबांचो स्पर्श मेळून । परत धुनींत गेली भाजून । मागीर गैरीका उटी चर्चन । मुखचुंबन तेन्ना मेळटालें ॥२०१॥ आसूं, कापूर केशर चंदन । दोनांय हातांक उटी लावन । गळ्यांत फुलांच्यो माळो घालून । तुऱ्याचो वास घेवंक सांगताले ॥२०२॥ सदा जांचें सुहास्यवदन । भोव प्रेमळ कृपेन निरिक्षण । तांकां कसलो शृंगार अभिमान । राखलो हो मान भक्तांचो ॥२०३॥ आंगांत जांच्या भक्तीचीं

१. पडगो. २. वटणें. ३. कोमट सूर्य.

[1]लेणीं । शृंगारला जो शांतिभुशणांनी । ताका ह्यो लोकीक माळो–मणी । अलंकरणीं जातल्यो कित्याक ॥२०४॥ जो वैराग्याचो पुतळो । ताका कित्याक पाचूच्यो माळो । भक्तीन जर गळ्यांत ओंपल्यो । इत्सा पूर्ण करीत तो भक्तांच्यो ॥२०५॥ स्वर्णपाचू दिव्यहार । गळ्यांत सोबताले मुक्तासर । अष्टाश्ट शोडश जांचे पदर । अभिनव पुष्करमिश्रीत ॥२०६॥ जायोजुयो–तुळशीमाळा । पांयां मेरेन जांच्या रुळटाल्यो [2]गळा । मुक्तकंठा कंठनाळा । मिरयताल्यो झळाळा अपूर्व ॥२०७॥ वांगडा पाचूचो भांगराहार । सुवर्णपदक छातयेचेर । कपलार श्याम तिबो सुंदर । भोव म्होंवाळ सोबतालो ॥२०८॥ ताका कितें म्हणचो फकीर । दिसतालो जो सदांच वैश्णवप्रवर । वयर हालतालीं तरंगां–चामर । सोबतालो शेलो जरीचो माथ्यार ॥२०९॥ भोवतेक जोग भोव प्रेमान । मंगलवाद्यांच्या गजरांत । घेवन पंचारत हातांत । बाबां वयल्यान उंवाळटाले ॥२१०॥ पंचोपचार पुजेसयत । घेवन पंचारत घणघणीत । निरांजन कापूर वात । उंवाळटाले बाबांक ॥२११॥ मागीर ही आरती जेन्ना सोंपत । एकेक करून सगले भक्त । बाबांक करून साश्टांग प्रणिपात । वताले आपआपल्या घरा कडेन ॥२१२॥ चिलीम अत्तर गुलाबपाणी दिवन । मागीर बाबांची आज्ञा घेवन । तात्याबा उठ्ठाले वचपाक घरा कडेन । तेन्ना बाबा म्हणीत ''सांबाळ म्हाका'' ॥२१३॥ ''वताच जाल्यार इतले रातीं । खबर घेत राव म्हजी'' । बरें, म्हणून मागीर तात्याजी । चावडे वयल्यान वताले घरा ॥२१४॥ अशे लोक वतकूच सगले । बाबा स्वताच [3]घडी सोडटाले । धोतरांच्यो घडयो पातळायताले । घालताले हांतरूण स्वताच ॥२१५॥ साठ पांसठ चादरी धव्यो । स्वता सोडून तांच्यो घडयो । पातळावन एकार एक सगल्यो । न्हिदताले तांचेर मागीर ॥२१६॥ असो हो चावडेचो प्रकार । इतले मेरेन जालो

१. भुशणां. २. गळ्यांत. ३. हांतरुणाची.

सविस्तर । आतां कथा जी उरल्या मुखार । येतली फुडल्या अध्यायांत ॥२१७॥ तरी श्रोत्यांनो करात क्षमा । अगाध ह्या साईंचो म्हयमा । सारांशान सांगल्यार उरची ना शिमा । गुरुत्वधर्मा पावता तो ॥२१८॥ आतां साईंच्या हांड्याची कथा । आनीक ज्यो ज्यो उरल्यात वार्ता । फुडल्या अध्यायांत सांगीन समेस्तां । रावात तयार आयकुपाक ॥२१९॥ अखंड गुरूस्मरण सुवार्थ । तोच हेमाडाचो निजपरमार्थ । गुरूचरण अभिवंदनान कृतार्थ । चारूय पुरुशार्थ ताचे पोटीं ॥२२०॥ संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । चावडीवर्णन नांवाचो हो सात्तिसावो अध्याय सोंपता हांगाच ॥

॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ॥ शुभं भवतु ॥

❍ ❍ ❍